# गृह आधार लावधारकांक प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजणेचो लाव

ता. 16 जानेवारी 2019
26 पौष 1940

बायलां आनी भुरग्यां उदरगत संचालनालयाच्या गृह आधार येवजणेखाला म्हयन्याक 1500/- रूपयांची आर्थिक मदत घेवपी सगळयां लावधारकांचो आसपाव प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजणेखाला करून घेवपाचो निर्णय सरकारान घेतला आनी विम्याचो हप्तो म्हुण प्रत्येक वर्सा जानेवारी म्हयन्यात लावधारकाच्या आर्थिक मदत रक्कमेतल्यान 12 रूपया वजा करतले.

ते खातीर सगळयां गृह आधार लावधारकांनी आपूण ज्या बँक शाखेतल्यान म्हयन्याची 1500/- रूपयांची आर्थिक मदत घेता, त्या बँक शाखेकडेन प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजणेखाला स्वतः नोंदणी करून घेवपाची विनवणी बायलां आनी भुरग्यां उदरगत संचालनालयान केल्या.

प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण ही एका वर्साची वैयक्तीक अपघात विमा येवजण आसून प्रत्येक वर्सा तिचे नुतनीकरण करचे आसता. अपघातात मरण आयिल्ल्या वा अपंगत्व आयिल्ले प्रकरणी विम्याचो लाव मेळटा. 18 ते 70 वर्सा पिरायेच्या लोकांक हे येवजणेचो लाव घेवपाक मेळटा. विमाधारकाक अपघातात मरण आयल्यार वा कायमचे पूर्ण अपंगत्व आयल्यार 2 लाख रूपया आनी कायमचे अपंगत्व आयल्यार 1 लाख रूपया विम्याचो लाव मेळटा.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/45